आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक खबरो १०.०१.२०२५

सकाळी ७.२५

- पुलीस तशेंच अंतर्गत सुरक्षा हांच्या आव्हानांक येसस्वीपणान तोंड दिवपा खातीर भारतीय पुलीस दळांचें स्मार्ट दळांत रुपांतर करपाक सरकार बांदील आसा अशें केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां. काल नवी दिल्लींत पुलिस अनुसंधान आनी विकास ब्यूरो (बीपीआर अँड डी) हांगा जाल्ले नियाळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटना मंत्री शाहा उलयताले. बसके वेळार मंत्री शाहा हाणी ब्युरोच्या स विभागांची तशेंच तांचीं कामां, चालू आशिल्लीं कामां आनी फुडाराचो नकासो हांचो नियाळ घेतलो. तशेंच नव्या गुन्यांवकारी कायद्यांची अंमलबजावणी करपा खातीर पुलीस संशोधन आनी विकास ब्युरोन केल्ल्या यत्नांचो आनी उपक्रमांचोय तांणी खाशेलो नियाळ घेतलो. तळागाळांतल्या पुलीस संस्थांक कसली आव्हाना आसात तें सोदून काडपा खातीर बीपीआर अँड डीन संशोधन करचें आनी ताचेर उपाय सोदपाचे दिकेन वावुरचें अशें घरमंत्र्यानी सांगलें.

- केंद्रीय येवजणे खाला गोंयांक ९० : १० प्रमाण निधी मेळचो. विकसीत भारत २०४७ खाला २०३७ मेरेन गोंयची उदरगत जावपाक आदर्श राज्य म्हणून गोंयांक फुडें हाडपाची गरज आसा. १६व्या वित्त आयोगा मुखार ही बाब मांडिल्याची माहीती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली. मजगतीं, गोंयांन केंद्रीय निधींतल्यान १.७६ टक्के निधीची मागणी केल्ल्याचें वित्त आयोगाचे अध्यक्ष डॉ. अरविंद पनगारिया हांणी पत्रकार परिशदेंत सांगलें. डॉ. अरविंद पनगारिया हांचे अध्यक्षते खाला १६वो वित्त आयोग गोंय भेटीचेर आयला. आयज सकाळीं वित्त आयोगाची मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी हेर मंत्र्यां वांगडा बसका जाली. हे बसकेक सरकारी अधिकारी हाजीर आशिल्ले. आयज आनी फाल्यां अशे दोन दीस वित्त आयोग गोंयांत आसतलो. विवीध खात्यां खातीर सरकारान ३२७०६ कोटींची मागणी आयोगाकडेन केल्या. उत्तरी पूर्व राज्यां खातीर सीएसएस येवजणे खातीर ९० : १० असो

फॉर्म्युला वापरिल्लो. होच फॉर्म्युला गोंयांक लागू करचो, अशी मागणी सरकारान केली. पर्यटन, शिक्षण, मुळाव्यो सुविधा, शेती हाचे खातीर बरो निधी मेळचो म्हणून उपेगी सादरीकरण केल्ल्याचें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी बसके उपरांत सांगलें. कराच्या निधीचो वाटा ४१ टक्क्यां वेल्यान ५० टक्क्यां मेरेन वाडोवचो, अशी मागणी गोंय सरकारान केली. तशेंच निधीचो वाटा ०.३८६ टक्क्यांवेल्यान १.७६ टक्क्यां मेरेन वाडोवचो, अशी मागणी जाली. आयोगाचे अध्यक्ष डॉ. अरविंद पनगारिया हांणी पत्रकार परिशदेंत ही माहिती दिली. गोंय सरकारा वांगडा बसका जाले उपरांत  वित्त आयोगाचे अध्यक्ष डॉ. अरविंद पनगारिया हांणी पत्रकार परिशद घेतली. ह्या वेळार हेर वांगडी आनी अधिकारी हजर आशिल्ले. तरेकवार १३ प्रकल्पां खातीर गोंयांन ३२७४६ कोटी रूपया मागल्यात. गोंय हें पर्यटन राज्य. आकार आनी लोकसंख्या जरी उणी आसली तरी लोकसंख्ये परस चड लोक हांगा राविल्ल्यान आदले परस चड निधीची मागणी गोंयान केल्या. ह्यान पयलीं आमी १४ राज्यांक भेट दिल्या. गोंय हें १५वें राज्य. राज्यांचे मागणेचो विचार करीत आयोग केंद्र सरकाराक निधी विशीं शिफारस करता. निमाणो निर्णय केंद्र सरकार घेता, अशे डॉ. पनगारिया हांणी म्हणलें.

- गोंय विधिकार मंचावतीन काल पर्वरे विधानसभा प्रकल्पात आयोजीत कार्यक्रमात गोंय विधिकार दीस मनयलो. गोंय विधिकार दीस कार्यक्रमाक गोंयचे आदले आमदार आनी खासदार उपस्थित आशिल्लें. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हूण हजर आशिल्लें. ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या आजी-माजी आमदारां आनी खासदारांक एकठाय हाडपाचो कार्यक्रम आयोजीत केल्ले खातीर मंचाचे अभिनंदन केले. फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यान मंचान ह्या वेळार उपस्थित केल्ल्या  म्हादय न्हंय, नितळ आनी हरीत गोंय आनी हेर प्रस्नांनी  गोंय सरकार लक्ष घालतले, अशें सांगलें. सरकारान अर्थिक तजवीज करून वेगवेगळ्या मळार सुदारणां करपाचे काम सुरू केल्ले आसा, अशेंय तांणी सांगलें.  मानले. विधानसभा सचीव नम्रता उल्मन आनी हेर अधिकारीय कार्यावळींक हाजीर आशिल्लें.

- गोंय राज्यांतल्या अनुसूचीत जमातीच्या (एसटी) कल्याणाखातीर काम करपी बिगर सरकारी संस्थांक अर्थीक मदत करपा खातीर आदिवासी कल्याण संचालनालया वतीन केंद्रीय आदिवासी मंत्रालय पुरस्कृत येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता. शिक्षण क्षेत्रात एसटी समाजातल्या विद्यार्थ्यां खातीर अनिवासी आनी निवासी शाळां आनी हॉस्टेल चलोवप आनी देखभाल, भलायकी क्षेत्रात हॉस्पिटल, दवाखानो चलोवप, भोवतो दवाखानो चलोवप आनी उपजीवीका क्षेत्रात शेती, नुस्तेमारी, दुद वेवसाय, उदका संवर्धन, सेंद्रीय/सैमिक शेती अशां प्रकल्पा खातीर आपवावूरपी संस्थांखातीर अर्थीक मदत दितात. हे येवजणांखाला अर्थीक लाव घेवपा खातीर आपवावूरपी संस्थांनी केंद्रीय आदिवासी मंत्रालयाच्या www.ngo.tribal.gov.in. ह्या व्हेबसायटीचेर भेट दिवची वा आदिवासी कल्याण संचालनालय, श्रमशक्ती भवन पाटो पणजी गोंय हांगा संपर्क करचो.